19th July 2025 सकाळी – 8.40

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं, मनाली प्रभुगावकर तुमका ह्यो राष्ट्रीय खबरो दिता.

## मुखेल खबरो

- 2047 मेरेन, भारतान विकसीत राष्ट्र जावपाचो केल्लो संकल्प, हो संवसारीक चर्चेचो केंद्रबिंदू आसा, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

- छत्तीसगढच्या नारायणपूर जिल्ह्यांत, काल सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकींत स माओवाद्यांक मरण आयले.

- सोमारा सावन सुरू जावपी, संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुयेर सरकारान फाल्यां, सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.

- हंगेरींतल्या बुडापेस्टांत जाल्ले, Polyák Imre & Varga János यादिस्तीक 2025 सर्तींत, भारतीय बायलां कुस्तीपटूनी दोन भांगरा, एक रुपें आनी एक कांस्य पदका सयत, चार पदकां जोडलीं.

- भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां केरळात, उटांगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, 'रेड अलर्ट' जारी केला.

## आता पुराय खबरो

प्रधानमंत्री मोदी बिहार - 130

2047 मेरेन, भारतान विकसीत राष्ट्र जावपाचो केल्लो संकल्प, हो संवसारीक चर्चेचो केंद्रबिंदू आसा, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. मुळाव्या साधनसुविधेतल्या परिवर्तनकारी बदलांक लागून, हे शक्य जाला, अशें तांणी स्पश्ट केलां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अस्तंत बंगालांतल्या दुर्गापूरांत, 5 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयलो आनी काय प्रकल्पांचे उक्तावण केले. ह्या प्रकल्पांक लागून ह्या वाठारांत जोडणी, गॅस आदारीत येरादारी वाडटली तशेच गॅस आदारीत

अर्थवेवस्थेक चालना मेळटली, अशें ताणी म्हटला. दुर्गापूर हि फकत स्टील सिटी न्हय तर भारताच्या कामगारांचें एक मुखेल केंद्र आसा. देशाच्या उदरगतींत तांणी म्हत्वाची भुमिका साकारल्या, अशें ताणी मुखार म्हळा. ताचे पयली प्रधानमंत्री मोदी हांणी बिहारांतल्या मोति-हारींत 7 हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो  आनी काय प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित केले. हातूंत रेल्वे, रस्ते, ग्रामीण उदरगत, नुस्तेमारी, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान ह्या मळावेल्या प्रकल्पांचो आस्पाव जाता. बिहारांतल्या तरणाट्यांक रोजगार दिवपाविशी तांणी सांगलें, कि

( Byte – PM Bihar)

देशांतल्या तरणाट्यांक रोजगार दिवपा खातीर केंद्र सरकार एक लाख कोटी रुपया खर्च करतलें, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी मुखार सांगलें. नक्षलवादाविशी उलयतना ताणी म्हळा, कि

( Byte – PM Modi )

माओवादी किल्ड -

छत्तीसगढच्या नारायणपूर जिल्हयांत, काल सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकींत स माओवाद्यांक मरण आयले. सुरक्षा दळांच्या संयुक्त पंगडांनी, माओवाद्यांच्या हाजिरे विशीं गुप्तचर म्हायतीचेर आदारीत, माओवाद विरोधी कारवाय सुरू केली, तेन्ना अबूझ-मद वाठारांतल्या रानांत चकमक सुरु जालीं, अशें राज्य पुलीस महानिरीक्षक पी.सुंदर राज हांणी सांगलें. आतां मेरेन, एन्कावंटर स्थळार  स माओवाध्यांक मरण आयिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळयां. तशेंच एके 47 आनी सेल्फ लोडिंग रायफल सयत, व्हड प्रमाणांत शस्त्रां थंयच्यान जप्त केल्यांत. एन्कावंटर स्थळार आनी भोंवतणच्या वाठारांनी सुरक्षा दळान, सोद कारवाय सुरू केल्या.

पावसाळी अधिवेशन -

सोमारा सावन सुरू जावपी, संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुयेर सरकारान फाल्यां, सर्वपक्षीय बसका आपयल्या. हे बसके वेळार, संसदेच्या दोनूय सभाघरांचें काम सुचारूपणान चलचें, हे खातीर सरकार सगल्या राजकी पक्षांकडल्यान, सहकार्य मागतलें. ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखे सावन, फुडल्या म्हयन्याच्या 21 तारखे मेरेन पावसाळीअधिवेशन चलततलें. अधिवेशनांत जायते म्हत्वाचे कायदे, चर्चा आनी संमत करपा खातीर येवपाचे आसात.

अश्विनी वैष्णव - 100

सृजनशील अर्थवेवस्थेंत काम करपाची आकांक्षा आशिल्ल्यांक, साधनां आनी प्रशिक्षण दिवपाक केंद्र सरकार बांदिल आसा, अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. भारताचे सृजनशील अर्थवेवस्थेक उर्बा दिवपा हेतान, मुंबयच्या NFDCच्या आवारांत भारतीय सृजनशील तंत्रज्ञान संस्थेच्या कॅम्पसाचें उक्तावण करताना ताणी सांगलें, कि

( Byte – Ashwini )

जागतीक सृजनशील तंत्रगिन्यानांत भारताची तांक वाडोवपाच्या दिकेन हे म्हत्वाचें पावल आसा. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हाजीर आशिल्ले. मे म्हयन्यांत केंद्र सरकारान घेतिल्ल्या वेव्स उपक्रमाक लागून, सृजनशील अर्थवेवस्थेक चालना मेळ्ळ्या, अशे मत मुख्यमंत्र्यांनी उक्तायले आनी मुंबयंत आयआयसीटी सारकी संस्था सुरू केल्ल्या खातीर केंद्र सरकाराचे उपकार मानले.

**BREAK**

जी-२० अर्थमंत्री -

जी-२० अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेच्या गव्हर्नरांच्या गटान, दक्षिण आफ्रिकेंतली दोन दिसांची बसका संवसारीक सहकार्याक चालना दिवपाचेर लक्ष केंद्रीत करपी संयुक्त म्हायती वरवीं

सोंपयली. डरबनांत जाल्ले हे बसकेत संघर्श, वेपारी तणाव, पुरवण साखळींत व्यत्यय, रिण, हवामान संबंदीत संकश्टां सयत, मुखेल जागतीक आव्हानां हाताळ्ळीं. सध्याच्या आनी मुखावेल्या धोक्यांक तोंड दिवपा खातीर अधिकाऱ्यांनी एकठांय येवन, वावर करपाचें उतर दिलां. वाडीचेर केंद्रीत अर्थीक धोरणां आपणावपाक, मंत्र्यांनी मान्यताय दिली. तशेंच अर्थीक बफर तयार करपाचें, गुंतवणूक वाडोवपाचें आनी दरांत स्थिरताय सुनिश्चीत करपा खातीर, केंद्रीय बँकेच्या स्वातंत्र्याक आदार दिवपाखातीर वचनबद्धताय दिली. संवसारीक वेपार संघटनेन, आपलीं सगळीं कार्यां सुदारपा खातीर कांय व्यापक सुदारणा करपाची गरज आसा, अशें बसके उपरांत म्हळा.

NAAC सीएम -

National Assessment and Accreditation Council म्हळ्यार (NAAC) वरवी हाल्लीच केल्ल्या मूल्यांकना उपरांत, गोंय विद्यापिठाक NAAC ची 'A ' GRADE फावो जाल्या. हे मानांकन 2030 मेरेन हे लागु आसतले. अभ्यासक्रम शिकोवप, विद्यार्थ्यांचे शिकप आनी शिक्षणाची मुल्यांकन पध्दत, विद्यापिठात जावपी संशोधन, नवनिर्माण विस्तार कार्यावळी, मुळावी बांदावळ आनी शिकपाची साधनां हांच्या आदाराचेर विद्यार्थ्यांची प्रगती, प्रशासन आनी वेवस्थापन, हे निकश लक्षात घेवन, NAAC विद्यापिठाची श्रेणी थारायता. हेविशीं उलयताना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी खोशी उक्तायतना सांगले, कि

(Byte – CM on NAAC)

राज्यपाल सोपूत -

आदले केंद्रीय मंत्री पुसापती अशोक गजपती राजू हे २६ जुलयाक गोंयचे राज्यपाल म्हणून सोपूत घेतले. राजभवनाचेर २६ जुलयाक सकाळीं ११ वरांचेर सोपूतविधी सुवाळो जातलो. मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायमुर्ती अलोक आराधे हे तांकां, राज्यपाल पदाचो सोपूत दितले. राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे सुवातेर, गजपती राजू हांची राज्यपाल पदार नेमणूक करपाचो आदेश, राष्ट्रपतींनी १४ जुलयाक जारी केल्लो.

कुस्ती -

काल हंगेरींतल्या बुडापेस्टांत जाल्ले, Polyák Imre & Varga János यादिस्तीक 2025 सर्तींत, भारतीय बायलां कुस्तीपटूनी दोन भांगरा, एक रुपें आनी एक कांस्य पदका सयत चार पदकां मेळयलीं. ऑलिंपियन आंतीम पांघल आनी हर्षिता हांणी आपआपले वजन वर्ग जिखून, भांगरा पदकां जिखले. आंतीमान 53 किल वजनाच्या फायनलींत, रशियेची नतालिया मॅलिशेवा हिका 7 आड 4 अशे हारयलें. निमाण्या फेरयेंत चार फावटीं आशियाई चॅम्पियन जाल्ली, कझाकस्तानची झामिला बॅक-बर्गेनोवा हिचेर 10 आड 0 अशी प्रबळ जैत मेळोवन, हर्षिता हांणी 72 किल वजन गटात, भारताखातीर दुसरें भांगरा पदक जिखलें.

बुध्दिबळ -

बुध्दिबळांत ग्रॅण्डमास्टर कोनेरु हंपी, डी हरिका आनी आर वैशाली आनी आंतरराष्ट्रीय मास्टर दिव्या देशमुख हांणी फिडे संवसारीक बायला कारंड सर्तींत उपांत्य फेर्येंत पावलं घाले. काल ह्या चारूय बायला खेळगड्यानी जॉर्जियाच्या बातुमी हांगा निमाण्या आठ पावडयात प्रवेश मेळयलो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां केरळात, उटांगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, पावसाचो 'रेड अलर्ट' जारी केला. तशेंच आयज राजस्थान, मध्य प्रदेश, आसाम, तमिळनाडू, कर्नाटकाच्या कांय वाठारांनी उटांगराचो पावस पडपाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. तशेंच ह्या म्हयन्याच्या 24 तारखे मेरेन हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, पंजाब, हरियाणात काय सुवातींनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें हवामान खात्यान कळीत केला . फुडले 7 दीस ईशान्य भारतांतल्या जायत्या सुवातींनी गडगड आनी जगला सयत, मध्यम प्रमाणात पावस चालू उरतलो. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांत हवामान खात्यान फुडले पांच दीस, गडगड आनी जगला वांगडाच, हलक्या प्रमाणात पावसाची शक्यताय उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- 2047 मेरेन, भारतान विकसीत राष्ट्र जावपाचो केल्लो संकल्प, हो संवसारीक चर्चेचो केंद्रबिंदू आसा, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

- छत्तीसगढच्या नारायणपूर जिल्हयांत, काल सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकींत स माओवाद्यांक मरण आयले.

- सोमारा सावन सुरू जावपी, संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुयेर सरकारान फाल्यां, सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.

- हंगेरींतल्या बुडापेस्टांत जाल्ले, Polyák Imre & Varga János यादिस्तीक 2025 सर्तींत, भारतीय बायलां कुस्तीपटूनी दोन भांगरा, एक रुपें आनी एक कांस्य पदका सयत, चार पदकां जोडलीं.

- भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां केरळात, उटांगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, 'रेड अलर्ट' जारी केला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार